**<u>सरकारी पातळीवयलो शिगमोत्सव 10 मार्चा सावन</u>**

ता. 13 फेब्रुवारी 2020

राज्यात सरकारी पातळीवयल्या शिगमोत्सवाक 10 मार्चा सावन सुरवात जातली. पर्यटनमंत्री श्री. मनोहर आजगांवकर हांच्या अध्यक्षतेखाला पर्यटन भवनात जाल्ल्या बसकेत शिगमोत्सव-2020 चो कार्यक्रम निश्चित केलो.

बसकेक पर्यटन सचिव श्री. अशोक कुमार, पर्यटन संचालक श्री. मिनिनो डिसौजा, पणजीचे महापौर श्री. उदय मडकईकर, राज्यातल्या नगरपालिकांचे नगराध्यक्ष आनी मुख्याधिकारी आनी हेर संबंदीत अधिकारी हजर आशिल्ले.

बसकेत थारायिल्ले प्रमाण ता. 10 मार्च फोंडा, 11 मार्च सांगे, 12 मार्च केपे, 13 मार्च शिरोडा, 14 मार्च पणजी, 15 मार्च मडगांव, 16 मार्च दिवचल, 17 मार्च साखळी, 18 मार्च वास्को, 19 मार्च कुंकळ्ये, 20 मार्च काणकोण, 21 मार्च कुडचडे, 22 मार्च म्हापशें, 23 मार्च पेडणे आनी 24 मार्च्याक वाळपय राज्य पातळीवयल्या शिगमोत्सवाची मिरवणूक जातली.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2020/135

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA